**केळशी रेंज वाठारांत ल्हान शस्त्रांचे फारपेट प्रशिक्षण**

ता. 19 नोव्हेंबर 2025

शस्त्र प्रशिक्षण विभाग, आयएनएस हंसा, दाबोळी गोंय हांणी 26 आनी 27 नोव्हेंबर 2025 दिसा केळशी रेंज वाठारांत ल्हान शस्त्रांचे फारपेट प्रशिक्षण आयोजीत केला. फारपेट रेंज लागीच्या वाठारांतल्या नागरिकांक आनी मालमत्तेक कसलोच धोको आसचो ना. फारपेटाचो आवाज आयकुन लोकांनी भिवपाची गरज ना. पुण केळशी रेंजीक लागून आशिल्ल्या बीच सामकारच्या वाठारांत वचपाक थळाव्या नागरिकांक बंदी आसतली, कारण हो बीच वाठार धोक्याच्या वाठारात येता. तशेंच नुस्तेंमारी बोटी/मनरिजवण बोटींक केळशी रेंजीच्या 2 किलो मिटर दर्या वटेनच्या वाठारांत बंदी आसतली. ते खातीर नागरिकांनी आनी नाविकांनी वयल्या काळात धोक्याच्या वाठारांत प्रवेश करचो न्हय, अशें आयएनएस हंसाच्या कमांडिंग अधिकाऱ्यानी कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/889

--

----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.